Panaji

National News

17 April 2026,6.30pm

<u>प्रधानमंत्री</u>

नारी शक्ति वंदन अधिनियमांतल्या दुरुस्तीक तेंको दिवचो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सगल्या संसद वांगड्यांक उलो मारला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलां की, देशांतल्या लाखांनी लोकांचो लक्ष , संसदेचेर, बायलांचे  हित, आनी तिच्या निर्णयांचेर आसा. सगळया राजकी पक्षांनी बायलांच्या आरक्षणाच्या फाटबळांत मतदान करचें असो उलो प्रधानमंत्री मारला.नारी शक्ती वंदन अधिनियमांत दुरुस्ती करपा विशीं संसदेंत चर्चा सुरू आसा अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. दुरुस्ती भोंवतणी पातळिल्ले गैरसमज पयस करपा खातीर तार्कीक प्रतिसाद दिला आनी दरेक शक्यताय सरकारान हाताळ्ळया अशें तांणी नदरेक हाडलें.

<u>भारतीय नागरिकांक</u>

अस्तंत आशिया संघर्श सुरू जाले उपरांत इराणांतल्यान 2,361 भारतीय नागरिकांक सुरक्षीतपणान भारतांत हाडपाक यश आयला  अशी म्हायती विदेश वेवार मंत्रालयान आयज दिली. आयज दनपारां नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना मंत्रालयाचे म्हण्यारे  रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें, हातूंतले 2,060 आर्मेनियांतल्यान आनी 301 आझरबैजाना वरवीं भारतांत आयल्यात.

<u>एल पी जी</u>

अस्तंत आशियांत संघर्षा चालू असलो तरीय देशभरांतल्या एलपीजीची पुरवण स्थीर आसा अशें सरकारान आयज सांगलें. नवी दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांतली सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें, एलपीजीची पुरवण स्थीर आसा, काल मेरेन सुमार 50 लाख एलपीजी सिलिंडर  लोकांक पावल्यात अशें तिणें नदरेक हाडलें. आतां

सुमार 98 टक्के एलपीजी बुकींग ऑनलायन जाता, जाल्यार 93 टक्के डिलिव्हरी डिलिव्हरी प्रमाणीकरण कोड यंत्रणे वरवीं म्हल्यार otp प्रमाणीत जाता अशें सुश्री शर्मा हांणी सांगलें.

भारत आनी चीन

भारत आनी चीन हांणी नवी दिल्लींत शांघाय सहकार संघटना म्हल्यार (एस सी ओ) द्विपक्षीय सल्लागार चर्चा घडोवन हाडली . भारताच्या शिश्टमंडळाचें फुडारपण एस सी ओ चे राष्ट्रीय समन्वयक राजदूत आलोक अ डिमरी, आनी चीनाच्या शिश्टमंडळाचें फुडारपण राष्ट्रीय समन्वयक राजदूत यान वेनबिन हांणी केलें.हे बसकेंत दोनूय वटांनी एस सी ओ फुडाऱ्यांच्या निर्णयांची अंमलबजावणी आनी संघटनेच्या फुडाराच्या मार्गाचेर विचारांचो आदान-प्रदान केले.

हरिवंश

नामांकीत वांगडी हरिवंश, सलग तिसरे खेपे राज्यसभेचे उपसभापति म्हणून वेंचून आयल्यात. ते बिनविरोध वेंचून आयल्यात . राज्यसभेंच्या सभाघराचे फुडारी जे.पी.नड्डा हांणी हरिवंश हांका वयल्या सभाघराचे उपसभापति म्हणून वेंचून काडपाचो प्रस्ताव मांडलो. ह्या म्हयन्याच्या णव तारखेक हरिवंशाचो कार्यकाळ सोंपतकच हे पद रितें आसले . भारताचे आदले मुखेल न्यायाधीश रंजन गोगोय हांच्या निवृत्ती उपरांत राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू हाणी तांकां सभाघरांत उमेदवारी दिली.

'दिव्य भारत:

नीती आयोगाचे उपाध्यक्ष सुमन बेरी हाणी आज नवी दिल्लीत 'दिव्य भारत: भारताच्या आत्म्याचे एक जनेल ' या नावाच्या ग्रंथसंग्रहाचे प्रकाशन केले. हो ग्रंथसंग्रह सगली राज्य आणि केंद्रशासित प्रदेशांक समाविष्ट करपि , वर्षभर पर्यटनाखातीर एक व्यापक मार्गदर्शक आसा . हातून पर्यटन स्थळा, संस्कृती, खाद्यसंस्कृती, वस्त्रोद्योग आणि हस्तकला हाचो मिलाफ सादर केला आसून, प्रसिद्ध स्थळा तशेच चढ प्रसिध्द नाशिल्ली आकर्षणा दाखय्ल्यात . या पुस्तकात मासिक प्रवास दिनदर्शिका आणि राज्य प्रमाण सविस्तर म्हायती आसा. जाचो हेत देशभरात माहितीपूर्ण आणि वेगवेगळया प्रकारच्या प्रवासाच्या अणभवांक उर्बा दिवपाचो आसा.

## बायलांचो क्रिकेट

भारतीय बायलांचो क्रिकेट पंगड दक्षिण आफ्रिके कडेन पांच मॅचींच्या टी-20 मालिकेंत खेळपाचो आसा आनी पयली मॅच आयज डरबनांतल्या किंग्समीड हांगा जातली. मॅच भरतीत वेळा प्रमाण राती 9.30 वराचेर सुरू जातली. फुडली मॅचय आयतारा त्याच सुवातेर जातली. 27 एप्रीलाक निमाणी मॅची बेनोनीच्या विलोमूर पार्कांत जावपाची आसा.

## हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी रायलासीमाचेर उश्णताय ल्हारांचो अदमास काडला. तशेंच आयज खातीर हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाख हांचेर गाराच्या वादळा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास आशील्यान ऑरेंज अलर्ट जारी केला .फुडें आयएमडीन सांगलें की आयज दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, गुजरात राज्य, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.